# Akashvani Panaji Goa National Bulletin 8.40am 20.03.24

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भारत मंडपमांत आयोजीत स्टार्टअप महाकुंभांत आयज उलोवप करतले.
- लोकसभा वैचणुकेच्या पयल्या पांवड्यार 17 राज्यां आनी 4 केंद्र शासित प्रदेशांतल्या 102 सुवातांखातीर आयज अधिसुचोवणी जारी जातली.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या सावन दोन दिसांच्या भुतानाच्या भोंवडेर वतले.
- लोकपालान 'पयशे घेवन प्रस्न विचारपाच्या' प्रकरणांत टीएमसीची आदली खासदार महुआ मोइत्रा आड सीबीआय चवकशी करपाचे आदेश ल्यात.
- स्विस ओपन बॅडमिंटनांत भारताची गायत्री गोपीचंद आनी ट्रीसा जॉली हाणी उपांत्यपूर्व फेरयेंत सुवात मेळयली.
- भारतीय बॅडमिंटन खेळगडो लक्ष सेन दादल्यांच्या एकोडी गटांत संवसारीक क्रमवारींत 13वे सुवातेर पावलो.

आता पुराय खबरो

**Pm Startup-90**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज भारत मंडपांत स्टार्टअप महाकुंभांत उलोवप करतले. हो एक मंच आसा जो स्टार्टअप, नवनिर्माण करपी आनी उदेंत्या उद्देजकांच्या संवसारांतल्या भागधारकांक एकठांय हाडटा अशें सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. फाटल्या कांय वर्षांत स्टार्टअप संवसारांत भारताची उदरगत अदभूत जाल्या अशे तांणी मुखार सांगले.

सोमारा सुरु जाल्ल्या तीन दिसांच्या कार्यावळींत एआय, बी टू बी, एग्रीटेक, डीपटेक, क्लायमेट टेक, गेमिंग, ईस्पोर्ट्स, फिनटेक, इनक्युबेटर आनी एक्सीलरेटर हांचेर मंडप सयत क्षेत्र केंद्रीत दालना आसात. स्टार्टअपांक वेंचर कॅपिटलस्ट, गुंतवणूकदार आनी संभाव्य वेवसायिक भागीदार सयत आविश्कारकांच्या स्पेक्ट्रमा कडेन जोडपाचो स्टार्टअप कार्यावळीचो हेत आसा.

**LS Notification -80**

लोकसभा वैचणुकेच्या पयल्या पावंड्याखातीर आयज अधिसुचोवणी जारी जातली. ह्या पावंड्यात 17 राज्या आनी 4 केंद्रशासित प्रदेशातल्या १०२ लोकसभा मतदारसंघानी वैचणूक जातली. हातूंत तमिळनाडू 39 मतदारसंघ, राजस्थान 12 मतदारसंघ, उत्तर प्रदेश 8 मतदारसंघ, मध्य प्रदेश स मतदारसंघ, उत्तराखंड, आसाम आनी महाराष्ट्रांत दरेकी पांच मतदारसंघ, बिहार चार आस्पावता, अस्तंत बंगाल तीन मणीपूर सुनी मे धालमान मतदारसंघ, अरुणाचल प्रदेशांत दरेकी दोन मतदारसंघ, छातीमगर, Nagaland, Silkin Tripura, ie poate करणीयो दोळी एक आस्पावता ह्या म्हयन्याचे 27 मेरेन उमेदवारी अर्ज दाखल करूं येतात. फुडल्या म्हयन्याच्या 19 तारखेक मतदान जातलें, जाल्यार 4 जून दिसा मत मेजणी जातलें.

**Postal ballot-120**

चार राज्यांतली विधानसभा वैचणूक आनी लोकसभा वेंचणूकेचे फाटभुयेर भारतीय वैचणूक आयोगान टपाल मतपत्रिका वरवीं मतदानाची सुविधा दिवपाच्या हेतान उल्लेख केल्ल्या मतदारांच्या वर्गाक गरजेच्या सेवांचेर काम करपी व्यक्तींच्या वर्गात गैरहाजीर मतदार म्हणून अधिसुचोवणी जारी केल्या .. हे वळेरेंत मेट्रो, रेल्वे, बीएसएनएल वीज आनी भलायकी खातें, उजो पालोवपी सेवा, टपाल सेवा, विमानन, आपत्ती वेवस्थापन, दूरदर्शन आनी अखिल भारतीय रेडिओचे कर्मचारी आनी हेरां सयत मतदान दिसा कव्हरेजा खातीर आयोगान अधिकृत केल्ल्या माध्यम व्यक्तींचो आस्पाव आसा. लोकांचें प्रतिनिधित्व कायदो, 1951 च्या तरतुदी प्रमाण आनी ह्या प्रकरणाचेर योग्य विचार केल्यार, कर्तव्य आशिल्ल्याचेर टपाल मतपत्रिका वरवीं मतदान करपाची अधिसुचोवणी व्यक्ती वर्ग म्हणून गरजेच्या सेवांनी काम करपी व्यक्तींक दिल्या अशें आयोगान सांगलें. सार्वत्रिक लोकसभा वेंचणुकां सयत आंध्र प्रदेश, अरुणाचल प्रदेश, ओडिशा आनी सिक्किम ह्या राज्यांत विधानसभा वेंचणुकां आनी 13 राज्यांतल्या 26 विधानसभा मतदारसंघांनी पोटवेंचणुको जातात.

**Modi Bhutan visit-140**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सावन भूतानाक दोन दिसांची राज्य भेट दितले. ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री भूतानाचे राजा जिग्मे खेसर नामग्येल वांगचुक आनी भूतानाचे चवथो राजा जिग्मे सिंगये वांगचुक हांची भेट घेतले. तशेंच भूतानाचो समपदस्त त्शेरिंग तोबगेय हांचे कडेन उलोवणी करतले.भारत आनी भूतान हांचे मदर्ली नेमान उच्च पातळेचेर आदान- प्रदान करपाची परंपरा आनी सरकारान आपल्या शेजार पयलीं धोरणाचेर भर दिल्ल्या प्रमाण ही भेट आसा अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलें. भारत आनी भूतान हांचे मदीं एक आगळीच आनी टिकपी भागीदारी आसा जी परस्पर विस्वास, समजूत आनी सद्भावनेंत रुजल्या अशे विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगला. दोनूय देशामजगती आशिल्ले आध्यात्मिक दायज आनी लोकां कडेन उबदार संबंद भारत-भूतान संबंदांत खोलाय आनी जीवंतताय जोडटात. हे भेटींतल्यान दोनूय वटांनी द्विपक्षीय आनी प्रादेशिक हितसंबंदीत गजालींचेर विचारविनिमय करपाची संद मेळटली आनी दोनूय देशांतल्या लोकांच्या फायद्या खातीर आदर्श भागीदारी वाडोवपाचे आनी तीव्र करपाचे मार्ग विचारांत घेवपाची संद मेळटली अशे विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगला.

**लोकपाल-सीबीआई टीएमसी 90**

लोकपालान 'पयशे घेवन प्रस्न विचारपाच्या' प्रकरणांत टीएमसीची आदली खासदार महुआ मोइत्रा आड सीबीआय चवकशी करपाचे आदेश दिल्यात.

'मोइत्रा आड नोंदींत फावो ते प्रथमदर्शनी पुरावे आसात, ताकालागून पुराय चवकशी करपाक जाय अशे लोकपालान म्हणलें. भाजपा लोकसभा वांगडी निशिकांत दुबे हांच्या कागाळीचेर निर्णय घेतना हो निर्देश आयला. मोइत्रान दुबयच्या वेवसायीक दर्शन हिरानंदनी हाँचेकडल्यान रोख आनी भेटवस्तू घेवन ते बदला लोकसभेत प्रस्न विचारले असो आरोप भाजपा खासदारानी केल्लो. मोइत्राचेर केल्ल्या आरोपांची स म्हयन्यां भितर पुराय चवकशी करपाचो आनी दर म्हयन्याक चवकशेचो वेळार अहवाल दिवपाचो निर्देश लोकपालान सीबीआयक दिला.

नीती समितीच्या शिफारशी प्रमाण फाटल्या वर्सा डिसेंबरांत महुआ मोइत्राक लोकसभेतल्यान काडिल्ली.

**य लोकसभा 180**

गोयांत लोकसभेच्या 2 सुवातांखातीर 7 मेक मतदान जातले. उत्तर गोयातले 5 लाख 77 हजार 77 मतदार आपलो खासदार वेचतले. जिल्ह्यांत 863 मतदान केंद्रा उबारल्यात. आनी जिल्लो प्रशासनान पुराय तयारी केल्या अशी म्हायती जिल्लो अधिकारी डॉ. स्नेहा गित्ते हाणी पत्रकार परिशदैत दिल्या. हे वेळार पुलिस अधिक्षक अक्षत कौशल हजर आशिल्ले. लोकसभा वेचणुकेखातीर उत्तर गोंय लोकसभा मतदार संघातली वेचणूक तयारेविशी म्हायती दितना केंद्रीय आनी राज्य मुखेल वेचणूक अधिका-यानी लोकसभा वेचणुकेची कार्यावळ जाहीर केल्या अशे स्नेहा गित्ते हाणी सांगले. ते प्रमाण 12 ते 19 एप्रिल अर्ज सादरीकरण, 22 एप्रिल अर्ज फाटी घेवपाक आनी मतदान 7 मेक जातले. निकाल 4 जुनाक जातलो. दक्षिण गोयांत 112 जाल्यार उत्तर गोयांत 115 विभागीय अधिका-यांची नियुक्ती केल्या. दक्षिण गोयांत 37 आनी उत्तर गोयांत 16 तपासणी पंगड राज्यातले म्हत्वाचे रस्ते, जंक्शन हाँगा कार्यरत आसतले अशे कौशल हाणी सांगले. सोरो तस्करी आनी हेर गैरप्रकार टाळपाक शीमेर चौवीस वरा पुलिस आसतले, सीसीटीवी कॅमेरे लायल्यात. कसलोय गैरप्रकार दिसल्यार 2225383 वा 9699793464 ह्या क्रमांकाचेर सम्पर्क करू येता अशे ताणी सांगले. मतदान केंद्राभायर सावळीखातीर सोय, पिवकपाच्या उदकाची सोय, शौचालय, दिव्यांगाखातीर रॅम्प आसतले. 20 अतदान केंद्रा गुलाबी आसतली तर 5 मतदान केंद्रा दिव्यांगांक आसतली अशी म्हायती ताणी दिली.

**दक्षिण गोंय 80**

दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी अश्विन चंद्र हाणी दक्षिण गाँय पुलिस अधिक्षक सुनिता सावंत हाँचे वांगडा पत्रकार परिशद घेतली. लोकसभा वेचणुकेच्या फाटभुयेर आचार सन्हिता लागू जाल्ल्यान 50 हजारा परस चड रक्कम घेवन फिरपाक मनाई आसा अशे सांगले. रक्कम चड आसत जाल्यार तेविशीची कागदपत्रा आसची पडटली. नाजाल्यार रक्कम जप्त जातली. हे करपाक 25 फ्लाईंग स्कॉड नेमल्यात. बॅन्कानी दुबावीत वेव्हाराची म्हायती बेगोबेग दिवची अशे ताणी आवाहन केला.

दक्षिण गोयांत 5 लाख 95 हजार 70 मतदारापैकी 2 लाख 88 हजार 243 दादले जाल्यार 3 लाख 6 हजार 818 बायला मतदार आसात.

**Swiss open-100**

स्विस ओपन बॅडमिंटनांत काल रातीं स्वित्झर्लंडांतल्या बाझेल शारांतल्या सेंट जॅकबशाल अरेनाचेर जाल्ल्या बायलांच्या दोट्टी गटाच्या खेळांत भारताची गायत्री गोपीचंद आनी ट्रीसा जॉली हांणी केरी जू आनी एनी जू ह्या अमेरिकन जोडयेचेर 21-15, 21-12 अशे जैत मेळोवन प्री-क्वार्टरांत प्रवेश केलो. आयज लक्ष्य सेन, पीव्ही सिंधू, किदम्बी श्रीकांत, किरण जॉर्ज, प्रियंशु राजावत, आनी हेर एलिट शटलर बीडब्ल्यूएफ सुपर 300 सर्तीत आपली मोहीम सुरु करतले.

मजगतीं, फ्रेंच ओपन आनी प्रतिश्ठीत ऑल इंग्लंड ओपनांत ताणें केल्ल्या प्रभावी खेळा उपरांत लक्ष्य सेन दादल्यांच्या एकोड्या क्रमवारीत पांच सुवाति चडून संवसारीक 13वे सुवातेर पावला. हाचे वरवीं सेनान 2024 वर्सा पॅरिस ऑलिंपिक सर्तीत आपली सुवात घटमुट केली.